**मुख्यमंत्र्यान महात्मा गांधीजीक आर्गां ओपली**

ता. 2 ऑक्टोबर 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज गोंय सरकार आनी पोरणे गोंय ग्रामपंचायतीच्या सहकार्यान गांधी चौक, पोरणे गोंय हांगा आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या राष्ट्रपीता महात्मा गांधी जयंती सुवाळ्यात महात्मा गांधीजीच्या पुतळ्यात फुलांहार घालून तांच्या उगडासाक आर्गां ओपली.

पोरणे गोंय ग्रामपंचायतीच्यो सरपंच श्रीमती जनिता मडकईकर, आदल्यो मंत्री श्रीमती निर्मला सावंत, आदले आमदार श्री. धर्मा चोडणकर, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती आर. मेनका, माहिती आनी प्रसिध्दी सचीव श्री. संजय कुमार आनी हेर मानेस्तांनीय महात्मा गांधीजीक पुष्पांजली ओपतली

उपरांत पोरणे गोंय ग्रामपंचायत सभाघरात आयोजीत कार्यक्रमात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी हेर मानेस्तांनी आदले पंतप्रधान लाल बहादूर शास्त्री हांच्या फोटवाक फुलांहार घालून तांच्या उगडासाक आर्गां ओपली. लाल बहादूर शास्त्री हांचोय आयज जयंती दीस.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यान लोकांक मास्क आनी सॅनिटायजर वितरीत केले.

महात्मा गांधी जयंती दीस संवसारात आंतरराष्ट्रीय अहिंसा दीस म्हुण मनयतात.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/520

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA